30 March 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज महाराष्ट्र आनी छत्तीसगडाचे भेटेर. वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचे करतले उक्तावण.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत, देशविदेशांतल्या लोकांकडेन आपले विचार उक्तायतले.
- म्यानमारांत आयिल्ल्या विनाशकारी भूंयकापात, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, १ हजार ६४४ जाल्या. भारतान, ऑपरेशन 'ब्रह्मा' खाला मजत धाडल्या.
- आयज देशभरात, संवसार पाडवो व्हडा उर्बे उमेदीन मनयतात.
- आयपीएल क्रिकेटांत, अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत, गुजरात टायटन्सान, मुंबय इंडियन्साक 36 धांवड्यांनी हारयलो.

-----------------------------------------------

PM MH Chattisgarh-

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज महाराष्ट्र आनी छत्तीसगडाक भेट दितले.प्रधानमंत्री मोदी आयज सकाळीं नागपूराक वतले . स्मृती मंदिरांत दर्शन घेतले आनी राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे संस्थापक डॉ केशव हेडगेवर आनी गुरूजी म्हणून लोकप्रिय आशिल्ल्या माधवराव गोलवालकर हांकां मानवंदना दितले. ते उपरांत प्रधानमंत्री दीक्षाभूमिक भेट दितले आनी Dr. B R आंबेडकार हांका नमन करतले.प्रधानमंत्री दनपारां सुमार 3:30 वरांचेर छत्तीसगडांतल्या बिलासपूराक वतले. प्रधानमंत्री 33,700 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे जायते उदरगत प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले .

---------------------------------------------------

Mann Ki Baat -

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी 'मन की बात' कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार सांगतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 120वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, एआर न्यूज संकेतथळार, न्यूजऑनएअर मोबायल अपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच एआर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचो लायव्ह प्रसारण जातलो. आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---------------------------------------------------

म्यानमार - 80

ऑपरेशन ब्रह्माचो एक भाग म्हूण, भूंयकांप जाल्ल्या म्यानमारांतल्या यांगोन आनी नाय पी ताव हांगा, भारतीय वायुसेनेचीं पांच विमानां देंवली, अशी म्हायती विदेश वेव्हार मंत्रालयान दिल्या. ह्या विमानांत HADR साहित्य, 60 पॅरा फिल्ड एम्ब्युलन्स, आनी NDRF कर्मचारी आशिल्ले. NDRFचो पंगड आयज मंडालय वतलो आनी बचावकार्य करपा खातीर, शारांत पावपी पयलो पंगड थारतलो. ताचे आदीं काल नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी, 15 टन मजत आशिल्लें पयलें विमान यांगोन पावलां, अशें सांगलें.

---------------------------------------------------

म्यानमार २ -

मजगतीं, शुक्रारा 7 पूज्य 7 तीव्रतेच्या खर भूंयकांपाक लागून, म्यानमारांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 1 हजार 600 परस चड जाला. देशांतल्या लश्करी फुडारपणा खाला, सरकारान जारी केल्ल्या निवेदनांत म्हणलां, की आतां 1 हजार 644 लोकांक मरण आयला, जाल्यार जखमींचो आंकडो 3 हजार 408 जाला, आनी 139 जाण बेपत्ता जाल्यात. थायलंडाची राजधानी बँकॉकांत, धा जाणांक मरण आयिल्ल्यान 101 जाण, अजून बेपत्ता आसात.

---------------------------------------------------

Amit Shah Patna -

केंद्रीय घरमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी अमित शाह आयज पाटणांत राज्य पांवड्यावेल्या सहकारी परिशदेचें उक्तावण करतले आनी बिहारांतल्या गोपालगंजांत भौशीक बसकेंतय उलोवप करतले. उपरांत ते येत त्या बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर युती मतदारां कडेन चर्चा करपाचो एक भाग म्हूण पाटणांतय nda फुडाऱ्यां कडेन बसका घेतले. आंतरराष्ट्रीय सहकारी वरसा निमतान सहकारी परिषद जावपाची आसा . पाटणाच्या संभागरात आयोजीत जावपी कार्यावळीक देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान वेगवेगळ्या सहकारी संस्थांचे, पक्स, एफपीओ, व्यापर मंडळांतले 7000 परस चड प्रतिनिधी हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच केंद्रीय सहकारी मंत्री 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत कार्यावळी आनी प्रकल्पांची बुन्याद समर्पित करतलो आनी तांची बुन्याद घालतलो. तातूंत दरभंगाक मखाना प्रक्रिया केंद्र, मायक्रो atm वांटप, शेतकार उत्पादक संघटणेक fpo रीण आनी अन्नधान्यांचे नवे साठवण गोदाम हांचो आस्पाव जाता. सहकारी परिशदेक हाजीर रावल्या उपरांत शाह गोपाळगंजाक भेट दितले. गोपाळगंजांतल्या पुलीस लायन मैदानाचेर ते भौशीक बसकेंत संबोधन करतले. हाचे आदीं मंत्री शाह काल सांजे दोन दिसांच्या बिहार भेटेत पाटणा पावलो. पक्षाच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यां कडेन वेगवेगळ्यो मॅरेथॉन बसका घेतलयो आनी 2025 वर्साचे बिहार विधानसभा वेंचणुके सयत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली. केंद्रीय मंत्र्यान पक्ष फुडारी आनी कार्यकर्त्यांक nda

च्या  मतदारांच्या हेर फुडाऱ्यां आनी पक्ष कार्यकर्त्यां वांगडा समन्वयात्मक पद्दतीन काम करपाक सांगलें. तशेंच 2025-26 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांतल्या लोक केंद्रित तरतुदींचो प्रचार करपाचें काम  मंत्री शाहा हाणी  पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक दिलें.

--------------------------------------------------

Padwo -

आयज संवसार पाडवो. हिंदू पंचांगाप्रमाण आयज नवें वर्स सुरु जाता. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळ्यार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो ‘एक’ शुभ म्हूर्त अशें मानतात. आयज सावन शालीवाहन शक १९४७ ‘ विश्वावसू’ संवत्सर सुरू जाता. फाल्या सकाळी गुढी पूजन करून ह्या दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश , नवी आस्थापनां सुरु करप , नव्या प्रकल्पांची पायांभरणी करप , नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां फाल्याचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. आयज सावन रामांच्या तशेंच हेर देवळांनी रामनवरात्रोत्सवाच्यो कार्यावळी सुरु जातल्यो. भजन , कीर्तन , नामस्मरण अश्या कार्यावळींचो तांतूत आसपाव जाता. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात. तातूंत आयजचो संवसार पाडवो-एक , दसरो-एक, अक्षय्य तृतिया-एक आनी गोरवांचो पाडवो म्हळ्यार कार्तिक शुद्ध प्रतिपदा-अर्धो अशें मेळून हे साडेतीन म्हूर्त जातात.

--------------------------------------------------

हमास -

इजिप्त आणि कतार कडल्यान गाझा युद्धबंदीचो आयिल्लो नवो प्रस्ताव, हमासान मान्य केला. इझ्राएल ह्या करारात आडमेळीं हाडचो ना, अशी आस्त बाळगून, दोन दिसां आदीं मेळिल्लो युद्धविराम प्रस्ताव, सकारात्मक रितीन मान्य केला, अशे हमासाचे मुखेली खलील अल हय्या हांणी, आपल्या भाषणात म्हळें. ह्या प्रस्तावांत,

हमासाक दर सप्तकांत, पांच इझ्राएली बंधक सोडपाची सुचोवणी केल्या. इझ्राएलाचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांच्या कार्यालयान, हो प्रस्ताव मेळिल्ल्याची खात्री करून, इझ्राएलान अमेरिकेच्या समन्वयान प्रतिप्रस्ताव धाडला, अशें सांगलें.

--------------------------------------------------

आयपीएल - 110

आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत, गुजरात टायटन्सान, मुंबय इंडियन्साक 36 धांवड्यांनी हारयलो. पयली बॅटींग करताना, गुजरात टायटन्सान आपल्या थारायिल्ल्या 20 ओव्हरींनी, 8 बाद 196 धांवड्यो केल्यो. तातूंत साई Sudharsanनान 41 बॉलांनी 63 धांवड्यो केल्यो. मुंबय खातीर हार्दिक पांड्यान, दोन विकेटी घेतल्यो. ताका जाप दितना, मुंबय इंडियन्स 20 ओव्हरींनी, 6 गडी वगडावन, फक्त 160 धांवड्यो काडूंक पावले. जाल्यार, सूर्यकुमार यादवान 28 बॉलांनी 48 धांवड्यो काडल्यो. गुजरात खातीर मोहम्मद सिराज आनी प्रसिध्द कृष्णा हांणी, दरेकीं दोन विकेटी घेतल्यो. आयज दिल्ली कॅपिटल्स आनी सनरायजर्स हैदराबाद संघामदि, विशाखापत्तनमांत दनपारां 3:30 वरांचेर खेळ जातलो. जाल्यार, दुसऱ्या खेळात राजस्थान रॉयल्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स, गुवाहाटींत सांजे 7:30 वरांचेर खेळतली.

--------------------------------------------------

बुध्दिबळ ताशकंट -

बुध्दिबळांत, भारताच्या निहाल सारीनान, उझबेकिस्तानांतल्या ताशकंदांत, ताशकंद ओपन आग्झा-मोव मेमोरियल खिताब 2025 जिखला. 20 वर्सां पिरायेच्या भारतीय ग्रॅण्डमास्टरान, 10 पैकी 8 अपराजित गूण मेळोवन खिताब मेळयलो. ह्या जैताक लागून, निहालान 7 पूज्य 1 एलो रेटिंग पॉयंट मेळयला आनी ताचें लायव्ह रेटिंग 2

हजार 694 मेरेन पावला. जें प्रतिष्ठित 2 हजार 700च्या निशाणा पासून, फकत एक पावल पयस आसा.

---------------------------------------------------

आयएमडी हवामान - 90

आयच्यान 2 एप्रील मेरेन, वायव्य भारतात चडांत चड तापमान, 5 ते 6 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा, असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या चार दिसांत, उदेंत आनी व्दीपकल्प भारतात चडांत चड तापमानांत, व्हडलोसो बदल जावचो ना. आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना, शास्त्रज्ञ डॉ. आर के जेनामानी हांणी सांगलें, कि अस्तंत बंगाल आनी ओडिशाच्या एकसुरे सुवातांनी, आयज उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती आसू येता. तशेंच मंगळारा आनी बिरेस्तारा मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, उत्तर कर्नाटकात गडगड मारपाचो अदमास, हवामान खात्यान उक्तायला. आसाम आनी त्रिपुरांतल्या काय वाठारानी, सोमारा मेरेन उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

---------------------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज महाराष्ट्र आनी छत्तीसगडाचे भेटेर. वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचे करतले उक्तावण.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत, देशविदेशांतल्या लोकांकडेन आपले विचार उक्तायतले.
- म्यानमारांत आयिल्ल्या विनाशकारी भूंयकापात, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, १ हजार ६४४ जाल्या. भारतान, ऑपरेशन 'ब्रह्मा' खाला मजत धाडल्या.
- आयज देशभरात, संवसार पाडवो व्हडा उर्बे उमेदीन मनयतात.

- आयपीएल क्रिकेटांत, अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत, गुजरात टायटन्सान, मुंबय इंडियन्साक 36 धांवड्यांनी हारयलो.

---------------------------------------------------